THE GOAN EVERYDAY
गोंयकार वार्ता भांगरभूंय

# गोंय विद्यापीठांत आकिनू ब्रागांझा हांची जल्मशताी दबाज्यान

## पयलेच फावटीं पांच भाशांच्या पुस्तकांचें लोकार्पण

भांगरभूंय | खबरांमेज

**पणजी :** शणै गोंयबाब भाषा आनी साहित्य संकाय आनी स्कूल ऑफ इंटरनॅशनल ॲण्ड एरिया स्टडीज, गोंय विद्यापीठ आनी लोटस फिल्म ॲण्ड टीव्ही प्रोडक्शन, गोंय हांच्या सहकार्यान 30 ऑक्टोबराक दोन उल्लेखनीय व्यक्तींच्या जिणेकार्याक उजाळो दिलो - आकीनू दी ब्रागांझा आनी तांची घरकान्न सिल्व्हिया ब्रागांझा जिणे तिचे कला आनी कविते वरवीं आकीनू हांकां अमर केलां. तशेंच ह्या वेळार पयलेच फावटीं पांच भाशांच्या पुस्तकांचें लोकार्पण जालें.

हे कार्यावळीचे दोन मुख्य घटक आसले - आकीनू दी ब्रागांझा हांचो शती सुवाळो, तांच्या समाजांतल्या म्हत्वपूर्ण योगदानाचेर उजवाड घालपी डॉक्युमेंटरी आनी सिल्व्हिया हांचे कवितेचें अनुवादीत पुस्तक प्रकाशन. आकीनू दी ब्रागांझा हे



स्वप्न सूर्य ह्या पुस्तकाचें लोकार्पण करतना गोंय विद्यापिठाचे कुलगुरु प्रो. हरिलाल मेनन, डॉ. आयरीन आल्मेदा, प्रो. अनुराधा वागळे आनी डॉ. दत्तेश परुळेकार.

गोंयचे एक प्रतिश्ठीत नागरीक आसले, जांणी मोझांबिकाच्या स्वातंत्र्याच्या लढ्या मजगतीं लिस्बनांत सामोरा माशेलाचे विशेश दूत म्हणून म्हत्वपूर्ण भुमिका केल्ली.

अधिष्ठाता प्रा. अनुराधा वागळे हांच्या येवकाराच्या उलोवपान कार्यावळीक सुरवात जाली. शणै गोंयबाब विभागांत पांच भाशांनी पदव्युत्तर कार्यावळी आसात. ह्या पांचूय भाशांनी कविता अनुवादीत केल्यात. गोंय विद्यापीठाच्या आयपीआर आनी पेटंट येवजणे अंतर्गत हें पयलें प्रकाशन आसा. 'स्वप्न सूर्य' ह्या पुस्तकाच्या अनुवाद कार्यांत डॉ. आयरीन आल्मेडा, एलिझाबेथ डेफ्रेन (फ्रेंच), लोरेन अल्बर्टो (इंग्लीश), नरेश नायक (कोंकणी), आदित्य सिनाय भांगी (हिंदी) आनी पूर्वा वस्त (मराठी) हांणी अनुवादकाच्या रुपान म्हत्वाची भुमिका केल्या.

गोंय विद्यापीठाचे कुलगुरू प्रो. हरिलाल मेनन हांचे हस्तुकीं ह्या पुस्तकांचें लोकार्पण जालें. अनुवादकाचें कार्य खूब म्हत्वाचें आसता जें लिखणाची भाशीक शीम हुपपाचें काम करता अशें म्हणून मेनन हांणी सगल्या अनुवादकांची तोखणाय केली आनी तांचो भोवमान केलो.

ह्या वेळार डॉ. आयरीन आल्मेडा हांचेंय उलोवप जालें. लोकार्पण सुवाळ्या उपरांत एक पॅनल चर्चा जाली. हातूंत दक्षीण आफ्रिकेंतले मुखेल संशोधक आनी कार्यकर्ते डॉ. कॉलिन डार्च, आकीनू हांचे सोयरे मिगेल ब्रागांझा हांणी वांटो घेतलो. नलिनी डिसोझा हांणी 'स्पेशल एन्वॉय', 'रिमेंबरिंग आकीनू दी ब्रागांझा' ही डॉक्युमेंटरी सादर केली. डॉ. दत्तेश परुळेकार हे ह्या पॅनलाचे अध्यक्ष आसले.

भांगरभूंय Sat, 02 November 2024
epaper.thegoan.net/c/76154386

- *Remembering an immortal Goa connection with Mozambique*: https://www.gomantaktimes.com/opinion/remembering-an-immortal-goan-connection-with-mozambique?
- *Honoring a Legacy: Celebrating Aquino de Bragança on His 100th Birthday:* https://www.heraldgoa.in/cafe/honoring-a-legacy-celebrating-aquino-de-bragan%C3%A7a-on-his-100th-birthday/415216